**Panaji national news 11  Aug 2026,6.30pm**

70 राष्ट्रीय सहकारी उदरगत म्हामंडळ

विरोधी पक्षाच्या बोवाळा मदीं लोकसभेन राष्ट्रीय सहकारी उदरगत म्हामंडळ (दुरुस्ती) विधेयक, 2026 संमत केलां. सहकार राज्यमंत्री मुरलीधर मोहोल हांणी प्रस्तावीत केल्ल्या ह्या विधेयकांत राष्ट्रीय सहकारी उदरगत म्हामंडळाच्या कार्यावळींची व्याप्ती औद्योगिक वस्तूंमरेन वाढवण्याचो यत्न केला. तशेंच राज्य सरकारांक सहकारी उदरगतींत वांटो घेवपी संस्थांक एन सी डी सी निधी वाडोवपाक मेळटा. म्हामंडळाक सहकारी संस्था आनी हेर पात्र संस्थांक थेट रीण आनी अनुदान दिवंक मेळटलें. सहकारी क्षेत्रांतल्या बदलत्या गरजांक लागून एनसीडीसीचीं कार्यां वाडोवप गरजेचें जालां अशें श्री मोहोल हांणी सांगलें.

80 रामनाथ ठाकूर

सरकार भारतीय हवामान विभागाच्या समन्वयान बदल्पी  मान्सून परिस्थितीचेर आणि एल निनोच्या कृषी वाठारावयल्या  संभाव्य परिणामाचेर  शेगीत लक्ष दवरून आसा. अश्ये  कृषी राज्यमंत्री रामनाथ ठाकूर हानी लोकसभेक  दिल्या लेखी उत्तरात सांगला. सामान्यपरस उणो पाऊस  पडपाची शक्यताय आशिल्ल्या १५ राज्यांतल्या  ३४२ जिल्ह्यां खातीर जिल्हा कृषी आपत्कालीन योवजणो  अद्ययावत केल्यात . एल निनोकडेन  संबंधित धोके उणे करपाखातीर  कृषी विज्ञान केंद्रांक प्रमाणित कार्यपद्धती (Standard Operating Procedures) लेगीत जारी केल्यात . १७२ लाख क्विंटलपरस  चढ  मागणेच्या फातभुयेर  बियाणे साठो  सुनिश्चित केला. अश्ये तानी मुखार सांगला

60. शेतकार आयडी

देशभरांत आतां मेरेन 10.33 कोटी परस चड शेतकार आयडी तयार जाल्यात अशें सरकारान सांगलां. लोकसभेंत बरयल्ल्या जापेंत शेतकी राज्यमंत्री रामनाथ ठाकुर हांणी सांगलें, शेतकार आयडी वरवीं पीएम-किसान, प्रधानमंत्री फसल बीमा येवजण, एम एस पी आदारीत खरेदी, पतपुरवण आनी आपत्ती निवारण अशा थेट फायदो हस्तांतरण येवजण्यांचें एकीकरण करपाक मेळटा. मोबायल फोन वापरून शेतकारांक स्वता फार्मर आयडी खातीर नोंदणी करपाक मेळटा अशें तांणी सांगलें.

100 झारखंडांतल्या निशेध

झारखंडांतल्या निशेध करपी विद्यार्थ्यांचेर पुलिसांनी केल्ल्या कारवायेचेर एनडीए खासदारांनी संसदेच्या आवारांत भितर मोर्चा काडलो. घरमंत्री अमित शाह ह्या प्रस्नाक जाप दिवपाक तयार आसा अशें सरकारान आश्वासन दिल्लें आसून लेगीत विरोधकांनी चर्चा टाळ्ळ्या असो आरोप प्लेकार्ड घेवन खासदारांनी केला. मंगल मिलान हे एनडीए संसदीय बसके उपरांत हो  मोर्चा जालो . केंद्रीय मंत्री अनुप्रिया पटेल हांणी विरोधकांनी मुद्दाम संसद खंडीत केला असो आरोप केला. झारखंड सरकारान निशेध करपी विद्यार्थ्यां आड बळगें वापरिल्ल्याचो आरोप भाजपा खासदार संजय सेठ हांणी केला. भाजपाचे फुडारी तरुण चुघ आनी बांसूरी स्वराज हांणीय काँग्रेस फुडारी राहुल गांधीचेर राजकी दुडवांचो आनी संसदेची कार्यवाही खंडीत करपाचो आरोप केला.

100 अरुणाचल प्रदेश

अरुणाचल प्रदेश हो भारताचो एक अविभाज्य आनी अभिन्न भाग आनी ही निर्विवाद वास्तवताय कांयच बदलूंक शकना अशें भारतान आयज परतून सांगलें. आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना विदेश वेवार मंत्रालयाचे म्हण्यारे  रणधीर जयसवाल हांणी सांगलें, भारत आनी चीन हांचे मदल्या

शिमेवयल्या वाठारां संबंदीत गजालींनी भारतान चीना कडेन जावपी चर्चा करतना हे प्रस्न सगळ्यांत गंभीर मानतात हाचेर सदांच भर दिला. ह्या वाठारांनी शांतताय आनी सुशेग तिगोवन दवरप हें देशाक सगळ्यांत चड म्हत्वाचें अशें तांणी सांगलें. भारतान बांगलादेशाच्या प्रधानमंत्री तारिक रहमानाक द्विपक्षीय भेटी खातीर तशेंच नवी दिल्लींत जावपाचें आशिल्ल्या ब्रिक्स आउटरीच सत्रांत आमंत्रण दिलां अशी म्हायती श्री जयसवाल हांणी दिली.

## खेळ

टेनिसांत आयज कॅनडियन ओपन 2026 सर्तीच्या बायलांच्या एकेरी सेमीफायनलीन आदली संवसारीक पयल्या क्रमांकाची इगा स्वियाटेक हिणें उपांत्य फेरयेंत पावल घाला. स फावटी ग्रँड स्लॅम जैतीवंत थारलेली स्वियाटेक हिणी रशियाच्या डायना श्नाइडर हिचो ६४ मिनिटांत ६-२, ६-१ असो पराभव केला. बेरेस्तारा जावपी उपांत्य फेरयेत स्वियातेक हिचो सामनो युक्रेनच्या एलिना स्वितोलिनाकडेन जातालो.

## 70 हवामान

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन ते तीन दिसांत ओडिशाचेर गडगड आनी जोगला वांगडा खूब व्हड पावस पडपाचो अजमास उक्ताला.तश्येच orang alert जारी केला. तशेंच फुडल्या दोन दिसांत अंडमान आनी निकोबार जुंवे, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा, राजस्थान हांचेर गडगड आनी जोगला सयत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा. छत्तीसगढ, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगीत-बाल्तिस्तान, मुझफ्फराबाद, उत्तराखंड, अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी मध्य प्रदेशाचेर अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा.